# भलायकी मंत्र्याची परिचारीका शिक्षण संस्थेक भेट

ता. 12 फेब्रूवारी 2018

23 माघ 1939

भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी आयज बांबोळी हांगाच्या परिचारीका शिक्षण संस्थेक भेट दिवन थंयच्या साधन सुविधा आनी सुरक्षेच्या बाबतीत विद्यार्थ्यांच्यो समस्यां जाणून घेतल्यो.

संस्थेच्या इमारती भोवतणी वेवस्थीत दुरींग नाशिल्ल्यान अनवळखी मनीस संस्थेच्या आवारात भितर सरतात आनी ते खातीर खास करून चली विद्यार्थ्यांमदी भिरातीचे वतावरण निर्माण जाला, अशें विद्यार्थ्यांनी मंत्र्याच्या नदरेक हाडून दिले. संस्थेच्या सरभोवतणी उंच दुरींग बांदपाची, सीसीटीव्ही कॅमेरा बसोवपाची तशेंच कँटिन आनी बस सुविधा उपलब्ध करपाचीय मागणी विद्यार्थ्यांनी केली.

श्री. राणे हांणी संस्थेचे कार्य आनी साधनसुविधांची सुदारणा करपाखातीर विद्यार्थी, शिक्षक आनी प्राचार्याचो आस्पाव आशिल्ली समिती गठीत करपाक सांगले. तशेंच रोखडेच सीसीटीव्ही कॅमेरे बसोवपाचे काम करतले अशेंय तांणी सांगले.

राज्यात परिचारीकांची अनेक पदां रिकामी आसून सरकार रोखडेच सुमार 200 पदां भरतले आनी कंत्राटी पद्दतीवयल्या परिचारीकांक नियमीत करपाचो निर्णय घेतले. तशेंच निओनेटल केअर आनी कार्डिओलॉजी विभागात परिचारीका अभ्यासक्रम सूरू करतले, अशेंय भलायकी मंत्र्यान सांगले.

परिचारीका संस्थेत आवश्यक शिक्षक आनी कर्मचा-यांची भरती करतले, अशेंय मंत्र्यान हे वेळार सांगले.

प्राचार्य कॅरोल नोरोन्हा, शिक्षक, अधिकारी आनी विद्यार्थी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.